
# म्होंवामुसाचें झाड

पॅटरिशिया पोलाक्को, कोंकणी अणकार : एविता देसौजा



# म्होंवामुसाचें झाड

पॅटरिशिया पोलाक्को, कोंकणी अणकार : एविता देसौजा

# The Bee Tree

Patricia Polacco



*म्हजी आवय, मॅरी एलेन हांकां,*

*जिणें साततीस वर्सां शिक्षक म्हूण वावर केलो...*

*आनी तिचे ल्हानपणांतले इश्ट,*

*ओले, इनार आनी मॅरी एग्नेस टुंडेवोल्ड,*

*हांकां मायेमोगान भेट.*





“आज्या, पुस्तकां वाचून म्हाका पुरो जालें,” मॅरी एलनान वाजेवन सुस्कार सोडलो. “ह्या वेळार म्हाका भायर वचून धांवचें आनी खेळचें अशें दिसता.”

“वाचन करपाचें मन ना तर तुजें? तुका भायर वचून धांवचें अशें दिसता, व्हय? तर म्हाका दिसता म्होंवामुसाचें झाड सोदपाचो होच सारको वेळ!” आज्यान म्हणलें, आनी भरणी सकयल देंवयली आनी आपलें चेपें घातलें.

“म्होंवामुसाचें झाड म्हणल्यार कितें रे आज्या?” मॅरी एलनान विचारलें.

“ज्या झाडार म्होंवामूस आपलें मालें बांदतात आनी जंय ते आपले म्होंव सांठयतात, सगळयांत गोड जिनस हें!.” मॅरी एलनाच्या आज्यान उमेदीन सांगलें.

“पूण घरांत आमचे कडेन तर भरपूर म्होंव आसा,” मॅरी एलनान म्हणलें.

“पूण तें असलें म्होंव न्ही बाय.” आज्यान दोळो मारीत म्हणलें.




मॅरी एलन आनी ताच्या आज्यान, दोगांनी आपले-आपले कोट चडयले आनी तीं भायर सरलीं. भायर बागेंत तांकां हॉलीहॉग्स फुलांचेर साबार म्होंवामूस बसून पराग चोखताना दिसले. आज्यान सावद रावन कांय म्होंवामुसांक कसलीच दुखापत जावंक दिनासतना एके कांचेचे भरणेंत तांकां धरले.

जाय तितले म्होंवामूस मेळळे म्हूण तो मुमुरखोच हांसलो आनी मॅरीच्या फुड्यांत येवन म्हणपाक लागलो, “हे म्होंवामूस पराग माल्यांत घालून ताचें म्होंव करतले, आनी हे पळोवंक आमी तांच्या फाटोफाट आसतलीं.”

मागीर आज्यान ल्हवूच भरणेचें धांपणें उगडलें आनी तातूंतल्यान एका म्होंवामुसाक सोडलो. मूस कांय वेळ भरणेचेर बसलो आनी उपरांत घूSS घूSS करीत मक्या शेताचे दिशेन उडलो.

“मॅरी, बेगीन धांव!” आज्यान म्हणलें आनी तीं दोगांय म्होंवामुसाच्या फाटल्यान धांवपाक लागलीं.







तेन्नाच व्हाळाचे वटेन मिसेस गोवलॉक ल्हान सिल्वेस्टराक बाबा-गाडयेंत घालून पासयेक वताली. मॅरी एलन आनी ताचो आजो थंयच्यान पासार जालीं.

“आयज आमी म्हांेवामुसांचें झाड सोदून काडटलींच!” आज्यान व्हडल्यान म्हणलें.

“हांवें ल्हानपणांतल्यान हें केन्नाच करूंक ना!” मिसेस गोवलॉकान उमेदीन म्हणलें, “हांवूंय तुमच्या बरोबर येवं?”

आज्यान तिका खुणावन यो म्हणलें. आनी तिगांय म्हांेवामुसाच्या फाटल्यान धांवपाक लागलीं. मक्याच्या शेतांतल्यान धांवतना सिल्वेस्टराची बाबा-गाडी आपटत-धोपटत वयर सकयल जाताली तेन्ना तो मोठ्या मोठ्यान हांसतालो. एक हांयस आवाज करीत हालत धोलत तांचे फाटोफाट चलपाक लागलें.







मक्याच्या शेतांतल्यान भायर सरून, चावडेर पावतकच, तांकां मिस्टर इन्नार आपले खटारे सायकलीचेर बसून येता आसतना दिसलो. “अरे तुमी इतले ताकतिकेन खंय वतात?” ताणें विचारलें.

“म्होंवामुसां झाड!” मॅरी एलनान खरशेत-खरशेत ताका जाप दिली.

“तुमी म्होंवामुसा फाटल्यान धांवतात काय झाडा फाटल्यान? म्हाकाय तुमच्या बरोबर येवंक जाय,” मिस्टर इन्नारान म्हणलें. ताणें सायकलीचीं पेदलां नेटान मारलीं आनी तांचे फाटोफाट गडागडा करीत सायकल पेटयत गेलो. धांवतना तांच्या बुटांचो खटाखुटू आवाज येतालो. बाबा-गाडी आपट-धोपटत मुखार वताली आनी हांयस आवाज करीत हालत-धोलत धांवतालें.

म्होंवामूस झप्प करून वयर उडलो, कांय वेळ थीर रावलो आनी तांचे भोंवतणीं गिरकी मारून नेटान ‘सेण्ट जो’ न्हंयेचे दिशेन उडलो.



मिस्टर ओलाव लण्डायगन हो, पेट्रा आनी डोर्मा हर्मन ह्या दोन भयणी वांगडा न्हंयचे देगेर पासयेक आयिल्लो.

ताणें ह्या सगळयांक आपले वटेन धांवतना पळयलें. ताणें उलो मारीत म्हणलें, “अरे तुमी खंय वतात?”


“आमी म्हौंवामुसां झाडा कडेन वतात!” मिस्टर इन्नारान खरशेत-खरशेत सायकलीचीं पेदालां मारीत म्हणलें.


“आमीय येवं?” दोगांय भयणींनी विचारलें.

“हय बेगीन! तुमकां धांवचें पडटलें,” मिस्टर इन्नारान म्हणलें.

“कांय हरकत ना. चल या!” तिगांय झपाझप पावलां मारीत तांचे फाटल्यान धांवलीं.

धांवत-धांवत, खरशेत-खरशेत, हा-हू करीत तीं एका फाटोफाट झाडाक सोदत गेलीं.







साहसी बॅर्था फिशवद, निकतेंच युकॉन वाठारांत जाल्ल्या सोद अभियानांतल्यान परततालें. रस्त्या कुशीकच ताची गाडी बंद पडिल्ली. तेन्नाच ताणें सगळयांक धांवता तें पळोवन म्हणलें, “कितें? तुमी सगळीं म्होंवामुसांचें झाड सोदतात? वा! पूण म्हाका दिसना तें इतलें सोंपें म्हूण. तरी हें झाड सोदप कितलें धाडसाचें न्हय!” अशें म्हणत बॅर्था तांचे फाटल्यान उडक्यो मारीत गेलें.

म्होंवामूस घूSS घूSS करीत मातसो सकयल आयलो आनी एकदम वयर उडत नदरे आड जालो.

आज्यान ल्हवू भरणेंतलो दुसरो म्होंवामूस सोडलो आनी ताचो सगळीं ताचो पाटलाग करूंक लागलीं.


सगळीं जाणां बोवाळ करीत दोंगर-दोंगुल्लींतल्यान धांवतालीं. वाटेर तांकां फेड्युशरी लाँगड्रॉपाल्या बोकडांचो कळप मेळ्ळो. तीं तांचे मदल्यान वाट काडीत धांवत सुटली आनी बोकड्यो बेSS बेSS करीत हांगा थंय फांफुडलीं.

"अरे कितें चल्लां?" फेड्युशरी आडुलो. "तुमी म्हज्या बोकडांक भेश्टायतात मरे!"

"म्होंवामुसां झाड!" एकल्यान म्हणलें.

हें आयकून फेड्युशरीन आपली बांसरी भायर काडली आनी वाजोवंक लागलो. बांसरेच्या नादार बोकडांचो कळप ताचे फाटोफाट चलूंक लागलो. "आयज खूब मज्जा येतली" धांवतां धांवतां ताणें म्हणलें.





तीन संगीतकार रस्त्या वयल्यान चलत वताले, दिस्त तांणी ह्यो बोकड्यो, बाबागाडी, जायते लोक आनी तशेंच सायकल, फुडल्यान भोव नेटान धांवत येतात तें पळयलें.

“हे लोक अशें कित्याक धांवतात पप्पा?” एका भुरग्यान आपल्या बापायक विचारलें.

“आमी त्या म्होंवामुसाच्या फाटल्यान धांवतात!” आज्यान ताका मळबांत उडटल्या एका बिंदू कडेन बोट दाखयत म्हळें.

“तो आमकां म्होंवामुसांच्या झाडा कडेन व्हरून पावयतलो,” मॅरी एलनान संगीतकारांच्या फुडल्यान धांवतना तांकां कळयलें.

“तुमीय येतात जाल्यार येयात!” बॅर्थान तांकां वांगडा येवपाचें आमंत्रण दिलें.





लोकांचो हो जमाव नेटान धांवतालो. मक्याच्या शेतांनी रोंप्यां मदल्यान वाट काडीत सगळें जाण धांवताले. कोणाकूच कित्याचीच पर्वा नाशिल्ली. सगळयांच्या मनांत एकूच ध्येय आसलो. म्होंवामुसांच्या झाडा कडेन पावपाचो!

तांणी कितलेशेच दोंगुल्ल्यो हुंपल्यो आनी मळ हुंपले, व्हडल्या-व्हडल्या झाडां कुशीच्यान, रानांतल्यान तीं धांवतालीं.







रानांतल्यान तीं वतालीं तेन्ना म्होंवामुसान अचकीत गती धरली आनी तो तांच्या दोळयां मुखा वयल्यान केन्ना नाच्च जालो हें तांकांच कळळें ना. धांवन-धांवन तीं खरशेलीं. स्वास घेवचे खातीर, तांणी डंक्स वूड्सा कडेन कांय वेळ विसव घेतलो.

आज्यान मॅरी एलनाक कांचेची भरणी दिली आनी मॅरीन तातूंतलो निमणो म्होंवामूस भायर सोडलो.

तो म्होंवामूस सरळ दिकेन, मातसो सकयलूच उडून नीट डंकन वूड्स रानांत भितर गेलो.









“तें पळय म्होंवामुसांचें झाड!” आज्यान ल्हव आवाजान म्हणलें. “आनी थंयच आमकां भरपूर म्होंव मेळटलें. पूण ताचे खातीर आमकां खूब धुवर घालचो पडटलो.”

सगळीं जाणां खांदयांक आनी पानांक उजो घालून धुवर करपा खातीर कामाक लागलीं.

धुंवर जाताच सगळे म्होंवामूस शांत जाले. तेन्ना आज्यान इन्नाराचे सायकलीचेर पांय दवरून झाडा मेरेन हात पावयले. आनी ताणें म्होंवाचें पोळें तोडून बॅर्थाच्या हातांत आशिल्ल्या सिलवेस्टर बाबूच्या निवळ, अजून वापरूंक नाशिल्ल्या डायपरांनी घातलें. मागीर मॅरी एलनान तांच्यो ल्हान ल्हान पोटल्यो केल्यो आनी मिस्टर लुंडहेगनान त्यो काडून सिलवेस्टराच्या बाबागाडयेंत दवरल्यो. संगीतकार आपलीं वाद्यां वाजयताले आनी हर्मन भयणीं संगिताच्या तालार उमेदीन नाचतालीं. सगळें वातावरण उमेदी जाल्लें.





आज्यान सगळ्यांक आपल्या घरा च्यायेक आपयलें. च्या, बिस्कीट आनी निकतेंच हाडिल्लें ताजें-ताजें म्होंव सगळ्यांक दिलें!

सगळ्यां खातीर तो दीस खूब उमेदीचो आसलो. संगीत, नाच आनी म्होंवामुसांचें झाड सोडून काडिल्ल्याची तीं परत परत याद काडटालीं.





सगळे सोंपले उपरांत आज्यान मॅरी एलनाक एका कोनशाक व्हेलें आनी ताका सांगलें, “मॅरी आतां तुका हांव कितें तरी दाखयतलों, जें म्हज्या बापायन म्हाका दाखयल्लें आनी ताच्या बापायन ताका.”


आज्यान एका कुलेरान थोडें म्होंव घेतलें आनी ताच्या एका पुस्तकाचेर घातलें. “चाकून पळय,” ताणें परत ल्हव आवाजान म्हणलें.

मॅरी एलनान आपल्या पुस्तकाचेर दवरिल्लें म्होंव चाकलें.

“तुजें पुस्तक भितरल्यान ह्या म्होंवा इतलेंच गोड आसा म्हज्या शाण्या!” आज्यान समजावणेच्या सुरान म्हणलें. “धाडसाच्यो गजाली, ज्ञान आनी शाणेपणांच्यो गजाली आपशींच मेळनात. तांचे खातीर धडपडचें पडटा. पळय, आयज कशे तरेन म्होंवाचे आशेन आमी त्या म्होंवामुसाच्या फाटल्यान धांवलीं, तशेंच तुवें पुस्तकांच्या पानां मदल्यान ह्यो गजालीं सोदपाची गरज आसा, तांचे फाटल्यान लागपाची गरज आसा!”

इतलें सांगून आज्यान मॅरी एलनाक मायेन वेंग मारली.







त्या दिसाच्यान मॅरी एलनान पुस्तकां वाचपा विशीं केन्नाच कागाळ केली ना. तें केन्नाच वाजेवंक ना. तेन्नाच्यान पुस्तक वाचप ताका तितलेंच उमेदीचें दिसूंक लागलें, जितलें म्होंवामुसाच्या फाटल्यान धांवपाक दिशिल्लें आनी तातूंतल्यो गजाली म्होंवा इतल्योच गोड लागूंक लागल्यो.